# <u>अनुसूचीत जातीच्या विद्यार्थ्यांक उच्च शिक्षणाखातीर आर्थिक मदत</u>

ता. 13 नाव्हेंबर 2017
22 कार्तिक 1939

केंद्रीय सामाजिक न्याय आनी सबलीकरण मंत्रालयावतीन अनुसूचीत जातीतल्या विद्यार्थ्यांक उच्च शिक्षणाखातीर आर्थिक मदत दिवपाखातीर येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता. अनुसूचीत जातीतल्या विद्यार्थ्यांक 12 वी उपरांत आयआयटी, एनआयटी, आयएचएमएस, वैद्यकीय, कायदो आनी हेर संस्थांतल्यान उच्च शिक्षण घेवपाक आर्थिक मदत दिवप हो ह्या येवजणेचो उद्देश आसा. मंत्रालयान अधिसूचीत केल्या खंयच्याय संस्थेत प्रवेश घेतलेल्या अनुसूचीत जातीतल्या पात्र विद्यार्थ्यांक शिश्यवृत्ती दितात.

चड माहितीखातीर मंत्रालयाच्या ु.ीललरश्रक्षीीींळलश.पळल.ळप ह्या संकेत थळाचेर पळोवचे.